## मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं 'गोवा अन्नसंस्कृती' पुस्तकाचे प्रकाशन

ता. 28 ऑक्टोबर 2025

गोंयच्या पारंपरीक पाकशास्त्र संस्कृतीचे संवर्धन करपाक आनी वाडोवपाक खऱ्या अर्थान प्रयत्न करपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरी हांगा सचिवालयात म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यान प्रकाशीत केल्ल्या 'गोवा अन्नसंस्कृती' ह्या मराठी पुस्तकाचे प्रकाशन केल्या उपरांत उलयतना सांगलें.

पद्मश्री पुरस्कार जैतिवंत श्री. विनायक खेडेकर हांणी गोंयच्या पारंपरीक पाकशास्त्र संस्कृतीचेर हे पुस्तक बरयला. आधुनिकीकरणाक लागून गोंयची पारंपरीक खाद्य संस्कृती फाटी पडपाक लागल्या आनी अशा वेळार श्री. खेडेकर हांणी बरयिल्लें हे पुस्तक गोंयची पारंपरीक पाकशास्त्र आनी खाद्य संस्कृती सांबाळपाक उपेगी थारतले. गोंयच्या तरणाट्या पिळगेन हे पुस्तक वाचपाक जाय आनी ताचो उपेग आपल्या दिसपट्टे जीणेत करून पारंपरीक पाकसंस्कृतीक प्रोत्साहन दिवपाक जाय, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी सांगलें, हे पुस्तक गोंयच्या अन्न संस्कृतीचेर उजवाड घालता. गोंयची खाद्य संस्कृती तांदूळ, नाल्ल, नुस्ते आनी हेर पारंपरीक पिकावळ आनी अन्न जीन्नसांकडेन जोडिल्ली आसा आनी हे अन्न जीन्नस आमच्या समृद्ध सामाजीक आनी सांस्कृतूक वारशाचे प्रतिबिंब आसा. गोंयच्या पारंपरीक अन्न संस्कृतीचे संवर्धन करपा खातीर पर्यटन मळाचेर आवश्यक उपाय करपाचेर आनी उपक्रम राबोवपाचेर भर दिवपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

नामनेच्यो लेखीका आनी सामाजीक कार्यकर्त्यो श्रीमती शुभदा सवाईकर हांणी आपल्या उलोवपात श्री. खेडेकर हांणी गोंयांत शेकड्यांनी वर्सां सावन प्रचलीत आशिल्ल्या पारंपरीक खाद्यसंस्कृतीचो अभ्यास करून हे पुस्तक बरयिल्ल्याचें सांगून युवा पिळगेन हे पुस्तक वाचून गोंयची समृद्ध अन्नसंस्कृती, कृशी पद्धत आनी पाकशास्त्राचे म्हत्व जाणून घेवपाचे आवाहन केले.

म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे माहिती अधिकारी श्री. किरण मुननकर हांणी येवकाराचे उलवप केले. सहाय्यक माहिती अधिकारी श्री. श्याम गावकर आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

श्रीमती सिद्धी उपाध्ये हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले. श्री. विनायक खेडेकर हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/837

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.